## नॉन-बँकिंग वित्त कंपन्यावयल्या समन्वय समितीची बसका

ता. 16 जानेवारी 2019
26 पौष 1940

गोंय राज्याखातीरच्या नॉन-बँकिग वित्त कंपन्यावयल्या राज्य पातळीवयल्या समन्वय समितीची 16 वी बसका हालीच सचिवालयात जाली. गिरायकांची फसवणूक केल्ल्या आनी ज्या कंपन्यांच्या वेव्हाराची संबंदीत अधिकारीणीकडल्यान तपासणी चालू आसा अशा प्रकरणांचेर बसकेत चर्चा जाली. हिरा गोल्ड एक्सीम ली. हया कंपनीची चवकशी चालू आसून ही कंपनी साबार येवजणो चालीक लावन गुंवणूकदाराकडल्यान ठेवीची रक्कम एकठांय करता आनी वेगवेगळया येवजण्यांच्या ठेवीचेर म्हयन्याक आनी वर्साक चड परतावो दिवपाचे आस्वासन दिता.

फ्लायिंग बर्डस् व्हेंचर ली. ही आनीक एक लोकांची फसवणूक करपी कंपनी आसून ती आरबीआय कडेन नोंद जाल्ली ना. ही कंपनी गिरायकांक ठेवीचेर चड परतावो दिवपाचे आस्वासन दिवन पयशें एकठांय करता. नव्या गिरायकांकडल्यान ठेवीच्या रूपात आयिल्ल्या रक्कमेतल्यान पयलीच्या गिरायकांक पयशें फारीक करपाचो वेव्हार ही कंपनी करता.

विहान सेलिंग प्रा.लि.ही आनीक एक कंपनी धंदयाच्या नावान लोकांकडल्यान पयशें घेता आनी आर्थिक स्वातंत्र्य आनी भविश्य बदलपी कॅरियराचे आस्वासन दिवन लोकांक लुबाडटा.

मा/वाप/टीएससां/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/44